**गोंय घटक राज्य दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश**

ता. 29 मे 2020

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसाची परबी दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय घटक राज्य दिसाच्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी काळजासावन परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

30 मे 1987 वर्सा ह्याच दिसा संघप्रदेश आशिल्ले गोंय हे भारत देशाचे 25 राज्य जाले. घटक राज्य हे गोंयकारांची वेगळी वळख राखपा खातीरची चळवळ आशिल्ली आनी त्या खातीर ह्या दिसाक इतिहासीक म्हत्व आसा. डिसेंबर 1961 वर्सा गोंय परकीय राजवटीतल्यान मुक्त जाले, गोंयांक वेगळो संघप्रदेश म्हुण दवरपाचे वा गोंयांक शेजारच्या कर्नाटक वा महाराष्ट्र राज्यात विलीन करपाचे हो मोठो प्रस्न निर्माण जालो. आनी त्या खातीर 1967 वर्सा जनमत कौल घेतलो. स्वतंत्र भारतातल्या ह्या एकमेव जनमत कौलान गोंय , दमण आनी दीवाक संघप्रदेश दर्जासयत वेगळे दवरपाचो निर्णय घेवचो पडलो. उपरांत सगळ्यां मुखेल राजकीय पक्षांनी गोंयाखातीर घटक राज्याची मागणी केली. घटनात्मक कायदो 1987 च्या 56 व्या दुरूस्ती प्रमाण 30 मे 1987 दिसा गोंय संघप्रदेशाक राज्याचो दर्जो दिलो. ह्या इतिहासीक निर्णयान राज्याचो कारभार चलोवपाची जबाबदारी गोंयच्या लोकांचेर पडली. आयज फाटी वळून पळयतना राज्यान वेगळ्यां वेगळ्यां मळार केल्ल्या प्रगतीचेर चड समाधान जाता.

गोंयांन फाटल्या कांय दशकांत खास करून म्हत्वाच्या क्षेत्रात तोखणायेची प्रगती केल्या. शिक्षण, भलायकी, शेती, पर्यटन आनी साधनसुविधांच्या विकासाच्या क्षेत्रात म्हत्वाची भरारी घेतल्या. गोंयान दुरदृश्टी आनी जबाबदारीच्या भावनेन धाडस आनी निर्धारान विकास क्षेत्रातल्या आव्हांनांक यशस्वीपणान तोंड दिला. राज्यान अंमलबजावणी

केल्ले विंगड विंगड प्रकल्प आनी येवजणो गोंय राज्याक प्रगतीच्या मार्गार व्हरपाक उपेगी थारल्यो.

गोंयचे लोक जागृत, गिन्यानी आनी सुशिक्षीत आसात आनी नियोजीत आनी रचनात्मक कृतीतल्यान राज्याची आर्थिक प्रगती साधल्या. गोंयचे लोक आपल्या राज्याच्या फुडल्या नियोजीत आनी शाश्वत विकासा खातीर कशे तरेन योग्य मार्ग तयार करपाचो हे बेस बरे तरेन जाणात. गोंयांत सैमिक आनी मानवी क्षेत्रात भरपूर साधनसुविधां उपलब्ध आसात, जांच्या बळार राज्याक प्रगतीच्या तेंगशेर घेवन वचप शक्य आसा.

सध्या पुराय जग कोवीड-19 महामारीन पिडिल्ले आसा. कोवीड-19 दुयेंसाचो संसर्ग पातळचो न्हय म्हुण पुराय भारतात लॉकडावनची परिस्थिती आसा. ह्या महामारीन गोंय राज्याकय सोडिल्ले ना. पुण, जे तरेन राज्य सरकारान ही महामारी पातळची न्हय म्हुण उपाय आनी खबरदारी घेतल्या ताचेर हांव समाधानी आसा. आता मेरेन राज्य सरकार ह्या महामारीचेर नियंत्रण दवरपाक यशस्वी थारला. तशेंच जे तरेन राज्यात सामाजीक संसर्ग पातळपाचे सरकार आडावपाक शकले हे तोखणायेचे आसा. आता मेरेन गोंयांत जे कोरोनाचे दुयेंती सापडल्यात ते चड करून हेर राज्यांतल्यान प्रवास करून आयिल्ले आसात. ह्या महामारीच्या काळात उत्कृश्ट योगदान दिल्ले खातीर हांव मुख्यमंत्री, भलायकी मंत्री, मुख्य सचिव आनी हेर अधिकारी, तशेंच भलायकी कर्मचारी, पुलीस आनी अत्यावश्यक सेवा दिवप्यांचे उपकार मानता. तशेंच हांव गोंयच्या लोकांक सोशल डिस्टंसीग राखप आनी मास्क, ग्लोवस, हॅण्ड सेनिटायजरचो वापर अशी काळजी आनी उपाय घेवन सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचो उलो मारता. तशेंच जाण्ट्यांक आनी भुरग्यांक ह्या दुयेंसाचो संसर्ग जावचो न्हय म्हुण खास काळजी घेवपाची गरज आसा. म्हाक खात्री आसा की प्रधानमंत्र्यांचे

कार्यक्षम नेतृत्व आनी मार्गदर्शनाखाला एकवटीत निर्धारान आमी ह्या परिस्थितीचेर मात करतले.

सध्याच्या महामारीच्या परिस्थितीत हेर अनेक आव्हांना समोर आसात आनी राज्याची अर्थवेवस्था सुदारपाची काळाची गरज आसा. ह्या महामारीच्या काळात अन्न जीन्नसांची उपलब्धता आनी पुरवण हे एक मोठे आव्हान आसा.  गोंयांत शेती वेवसाय पुनर्जीवीत करपाची गरज आसा, हे आमकां आयच्या परिस्थितीन दाखोवन दिला. शेती उत्पादनात आत्मनिर्भर जावपाची गोंयाकडेन ताक आसा आनी सरकारान त्या दिकेन प्रयत्न करपाक जाय.

आयज गोंय आपली भाजी-फळां, दुध उत्पादन आनी हेर आवश्यक अन्न वस्तूंची गरज पुर्ण करपा खातीर शेजारच्या राज्यांचेर अवलंबून आसा. शेती उत्पादनात आत्मनिर्भर जावपा खातीर सरकारान जमीन हक्क कायद्यात सुदारणा, शेती मळार संशोधन आनी विकास, माती तपासणी आनी नवीन पीक विकासाक प्रोत्साहन दिवपाक जाय.  चडात चड पडीक आनी खाजन जमीन लागवडीखाला हाडपाक जाय. राज्यात कंत्राटी शेती आनी जमीन भाडे तत्वाचेर दिवपाचे कायदे स्विकारपाची गरज आसा, जेणे करून जमीन मालकांक कसलीच भिरात बाळगीनासतना आपली पडीक जमीन शेतकारांक शेती करपाक दिवपाक मेळटली. चडात चड शेतकारांनी शेती वेवसायाकडेन वळपाखातीर सरकारान शेतकारांक मदत करपाक जाय.  तशेंच गोंयात खण वेवसाय जाता तितले बेगीन सूरू जावचो म्हुण हांवे मागला. सर्वोच्च न्यायालयान ८८ खण लीजा रद्द केल्ल्यान 2018 सावन खण वेवसाय बंद पडला. खण वेवसाय परत सूरू जावपा खातीर सरकारान  नेटान प्रयत्न करपाक जाय. तशेंच सरकारान आयटी, फार्मा अशा उद्देगांचेर भर दिवपाक जाय. गोंय हे नक्कीच शिक्षणीक हब जातले हाची म्हाका खात्री आसा. गोंयांत वैजकीय पर्यटनाचोय विकास करपाक वाव आसा.

गोंय हे शांतीकायेचे आनी सामाजीक सलोख्याचे राज्य आसून हांव गोंयच्या लोकांकडेन ही समृध्द परंपरा राखून दवरपाची मागणी करता आनी राज्याच्या फुडल्या प्रगती खातीर एकजूटीन प्रयत्न करपाचो उलो मारता.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/301

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA